

मीरा

जीवन आनी कवन

शरत

प्रिय गोकुलदास प्रभुको -

हरि
5।।/57

मीरा

जीवन आनी कवन

(Konkani)
MIRA-JIVAN ANI KAVAN
monograph on MIRA BAI

SARATHCHANDRA SHENOI

1987 First Edition

COPYRIGHT RADHIKA BAI

Price Rs. 10.00

Printed at DEEPTI PRESS
New Road, Cochin-682002.
Phone-26260

मांडावळ

स्वागत	5
मीरा-जीवन	9
-कवन	19
चव्राय	56
स्वगतां	59
ग्रन्थसूची	64
पदानुक्रमणिका	66

SARATHCHANDRA SHENOI

Born on the twentythird of March 1953 at at Ernakulam, KERALA. After graduation in physics from the Kerala University, worked for some time as a salesman at PAICO, Booksellers. Joined the CANARA BANK in 1979. Has been writing in Konkani, chiefly poetry, since 1974. Poems have appeared in Konkani magazines published from Cochin, Mangalore and Goa. Recently Co-authored the Konkani translation of SRI KRISHNA KARNAMRITH with Dr. P. B. JANARDHAN of Madras.

Present Address : Sarathchandra Shenoi
Canara Bank, Tripunithura
KERALA-682 301.

स्वागत

मनिशांलो जीव भक्तिचे अगाध समुद्रांत बुडून परमात्मसाक्षात्काराचें मोत्ति काडूक केदनाय आटबिटे काडता. पुण सगटांकय तें मोत्ति मेळ्ळें तशि जावंचिना. आपण्यालें सर्वस्व अर्पण करचे व्यक्तिकच तें मेळता. तसलीं बरीं मनीश संताचे रूपान आमचे भारतभुंयचेर जन्मल्यांय. नामदेव, तुकाराम, कबीरदास, सूरदास, तुळसीदास-ह्या फुल्लांची एक दिगीच माळा मेळता. तांतूलें एक फूल भक्तमीराँ ती केदनाय कृष्णाले गोंवटेमाळेंत आसूंचि. कृष्णस्मरण करचे मनिशान केन्ना तरीय मीराक विसोरना.

भक्तांचे वळखींचे आनी जीणेचेविशिं मेळचि माहिति भोव ऊणे "अल्पविद्या भंयकरी" - अल्पज्ञान दवोरनु एक भक्ता पासून समजूणि करचें भोव कष्ट. मात्र न्हय, भक्तांचि जीवनवृत्ति आमकां न्हड महत्वाचि न्हय.आमकां जावका तें तांचें भक्तिचें रूप. मेडतांत जन्म घेत्तल्ले मीराले जन्मस्थानाचे विशीं जायतीं व्यतस्त ,मतां आसाय. त्या विषयांत चड ध्यान दिवंचे पशि तिजे भक्तिचेर आनी पदांचेर चड ध्यान दिवचें बरें.

चेर्डुपण थाकूनूच तिका कृष्णाचेर व्होडि भक्ति. आपण्याले घराकडेचो परिवेशूय तिका भोव अनुकूल आशिल्लो आपण्यालो इष्टदेव गिरिधराचे भक्तींत सगळीच बुडल्ले तिजे आत्मांत थाकून फुटल्ले उद्गारान "पदांचें" रूप घेतल्यां. तिजीं पूरा पद-कवन तिजे आत्माचे अनुभूतीत थाकून आयलले सत्याचे शब्द. तिजे काव्यांत दुसरे संतांवरि पौरुष जावो चैतन्य जावो मेळना म्हणु सांगताय. जल्यारीय मनिशाले मूल अनुभूतीनें तडोक स्पर्श केला तीणे. स्पष्ट सांगल्यार मीरालि अनुभूति एक खास तराचि अनुभूति. तांतू सत्य-साक्षात्कार आनी सौंदर्य-बोध मात्र न्हय दोनीचेंय आस्वादनय आसा.

आपण्याले जीवनांत भोगिल्ले संघर्षांत लौकिक जीविताचें दुख आनी पराजय केदनाय तिजि सखी आशिल्ली. पुण तिजे पदांत खंयपुणीय संशयाचो जावो अविश्वासाचो जावो आवाज मेळना मेळता तो सर्वत्र विश्वासाचो आवाज तिजे भक्तींत, ना तर साधनेंत एकमेळून लौकीक दुखय संतोष जाता. त्याच खातिर आपण्याले प्रियतम गोपालाचें विरह तिजे सिरसिरांत आसूनूय अत्यंत संयमान ती ताका आरत दाकेयता. तिजें लक्ष्य एकच-परमात्म-साक्षात्कार ! ते परमात्माचे लागि वचे वाटेक तीणे महत्व दिलेना. हे खातीर दुसरे संतांले वरि भक्तिचो कसलोय प्रत्येक संप्रदाय मीराले भक्तींत दिसूंयेना.

मीराली भक्ति फकत भक्ति न्हय, कृष्णाचेर तिका आशिल्लो प्रेम-अनुरागूय तं. होच अनुराग तिजे पूरा काव्याचें केंद्र आपण्याले प्रेमाखातीर ती आपण्यालें सर्वस्व त्यजून वा ओंपून त्याच प्रेमाचे दोरान आपण्याकच बांदूक आशेता. कृष्ण लागि ती केदनाय प्रेमाचि भीक मागता. हे खातीर संत आनी दुसरे भक्त कवींवरि मीरापदांत दर्शनाचि सावळि पडना.

आपण्याले समाजात सहज तराचि जीण काडचे मीरान आपण्याल्यो अनुभूतीच्यो घडियो स्पष्ट करतना तांतूच एक राग आनी ताळ जाणून वा नेणून आयले. स्पष्ट सांगल्यार तिजे पदांत संगीता तत्वय एकमेळून आसा. रागाचे आनी लयाचे संगात तिजे काळजांतलो ताप आनी संयोगा खिणा राकून दुख भोगचे तिजे जन्मजन्माची प्रीति ते गळ्यां थाकून पदांचे रूपान भायर आयल्याय.

देखून "मधुरगीतांची राजकुंवरी" हें नांव तिका भोव बरें साजता.

मीरालीं पदां साहित्यलोकांत श्रेष्ठ स्थानार आसाय. पुण तीणे कांय साहित्यशास्त्राक अनुसृत जावन पदां रचलींनाय. जाल्यार तिजे पदांत स्वाभाविक जावनु छंद, प्रास, लय अशि जायते शास्त्रांचो

प्रयोग मेळता. पश्चिम राजस्थानींतले आनी पोरने व्रजभासेंतले सरस शब्द मीरापदांत झळमळताय. मीरापदांत खास तराचे आनीकय जायते गुण आसाय. ते गुणांचें पडबिंब हे पुस्तकांतलीं पदां वाचतना तुमकां मेळतलें हो विश्वास हांव करतां.

कोंकणी आज दुसरे भासेंवरि वाढून येता. तिजें साहित्यभण्डार भरतच आसा. खंचीय भास जावो, तिजि वाढि पूर्ण जाता ते भासेंत मूळ साहित्य रचल्यार मात्र न्हय, दुसरे भासेंतलें साहित्य ते भासेंत भाषांतर करवन आयल्यार मात्र तं. हें सत्य केदनाय तर विसरूंक नज. दुसरे भासेंतले साहित्याचें भाषांतर आपण्याले आवय भासेंत करतना हे भासेक आपण पुष्टि दिता आनी उत्कृष्ट साहित्यसृष्टि हांगूच कशि करचें हेंवय समजून घेता. हेच वरी आवय भासेक भौमान दिवनु जाता तितलींच साहित्याफुलां तिजे पायमूळांत अर्पण करूंक आमकां एक प्रचोदनय मेळता. अशि उत्तमसाहित्याचें भाषांतर करनु आवय भासेलें भण्डार भरचे व्यक्तीक भौमान दिवंचो आमचो धर्म श्री शरतालो हो उद्यम प्रशंसनीय.

पश्चिमराजस्थानी आनी पोरने व्रजभासेंतलीं मीरापदां भाषांतर करचें कष्टतर. श्री शरतान आपण्याले आवय भासेचे विकासा खातीर काडलेले कष्ट भोव प्रशंसनीय–हांतूं दुबावूच ना. मीरापदांचो अर्थं आनी सौंदर्य, राग, ताळ, लय आनी मोवाळपण कायंच नष्ट करनातिल्लें हें भाषांतर वाचूंचि आमी व्हड भाग्यशालीं पुस्तकाचे वाचकांक मीराले जीणेची आनी तिजे पदांची पूर्ण वळख आनी समजणि मेळतली अशि विश्वास करतां हें एक सफल भाषांतर. कित्या? हें वाचतना मीराली मूळ पदावली वाचल्यार मेळतलो तो आनंद मेळता, आनी हे आनंदाचे उव्वारांत आमीय बुडून न्हाताय !

—डा. आशा. बी. एस.

कोचीन
१३–१२–१९८६



जीवन

परिचय

भक्तिचें जीण जाय तर येयात भारतभुंयचेर—ही भक्तांगेलि अपुरबायेचि मांय. उत्कृष्ट कवि बाकीबाब बोरकार ह्राणी खरेंच म्हळ्यां—

शतजन्म पुण्यतायेन नरजन्म भारतांत !

भक्ति जिणेचें ओखद अशि भारतवासीं ओळखतात. भक्तींत स्वयं विलीन जावन भायर तिजि अनुभूति वेगळ्यांकय पावौंचे खातीर कवन रचून घेतात भक्तकवी. महर्षि वाल्मीकि थावन म्हस्त भक्तकवीलीं नावां तुमी आयकल्यांत. हांतूत उत्तर प्रदेशाचे तुळसीदास आनी सूरदास हांचे वरी राजस्थानाचि मीरा बाईय हिन्दीचि उत्कृष्ट भक्त कवि. ती स्वयं श्रीकृष्णाचि जन्मजन्माचि दासी म्हणु जाणता. कृष्णभक्तींत ती पुर्तीच बुडून उरलि. कृष्णदर्शनाक तळवळवन तान्नेली ती स्वयं कृष्णमयी जावन रंगली. हें कारण हिन्दीचे कृष्णाभक्त कवि श्रेणींत तिका श्रेष्टतम स्थान मेळ्यां.

मीरा बाईलीं रचना "पदावली" अशे नांवान प्रसिद्ध. त्या कालाक बरौपाचि चालि ऊणे. तिजि जीं पदां आज आम्कां मेळतात त्याक एकच कारण तांचि लोकप्रियता. मीरा भक्तींत सामकी बुडून गींत म्हणताच आसली. जे गींत (पद) लोकांचे जिबेंर जिवेच उरले तेच भारी वर्स नंतर कागतार पावले. हे खातीर निज तिजीच म्हणपाचि

"संपूर्ण मीरा पदावली" इकठांवपाक जायना. वंटार सून वंटार येताणा चिके पदां परतलींय बि. तिजे पदावलींत २०० भायर पद आसात अशि लेकतात. तीणे चड करून राजस्थानी शैलीन रचल्यां. कांय पदां मागीर व्रज आनी गुजराती शैलीनय आसात. गावपाक साजूचे गींत म्हणिल्यान पदावलींत छंदशुद्धि ऊणे. पुण हांचि कंठशुद्धि होडि ! पदावलींत सुमार ४० भायर राग-रागनियांचो प्रयोग केला. संगीतबद्ध रचना स्वतःच कृष्णभक्त कवीनींच चड जावन केल्या. संत सूरदास हांतूत वरिष्ट. पुण मीरा पिरथमच एक विरहिणी –मात नंतर एक कवयित्रि. विरहाचो कंठ तिजो आपलोच रावला. संगीतयोजना आनी सगुण कृष्णप्रेमाचि माधुर्य भावना मीराले पदावलींत प्रकट आसात. कृष्णादर्शनाक तळवळेवंचे विरहिणी मीराक हिन्दी साहित्यांत अनुपम स्थान सदांचे खातीर उरल्यां.

चरित्र

कदीमकाळा पासून राजस्थानांत शक्तीक मोल. वीरता तांचे काळजांत भरून उरतालि. खांडे दिकतर, "रण" म्हण आयकनर रजपुत्रांचें रक्त खतखतेतालें ! सगळेच भारतांतूय "निर्बळांक बळ राम !" असो भक्तिचो परिमळ पसारतरीय विक्रम वर्साचे सोळाव्या शेंकड्यांतूय राजस्थानांत शक्त्युपासना चमकून आयलि. हे कालाक तं अक्समात "मेडतांत" थावन, भक्तीन उपाट भरिल्लो मीराबाईलो गळो आयकूक आयिल्लो.

मरुभूमीचेर जशें कांय तुळसीझाड किरललें तशें तिजो जन्म राजस्थानाचे चरितांत !

कनौजाचे राय जयचन्दालो नातु राथोर राव सीहाजीन विक्रक वर्स चौदावे शेंकड्याचे सुरुवेक पालींत (मारवाड) तागेलें राज्य स्थापन केलेलें. ताजे पिळगेंतले राव जोधाजीन वि. १५१८ वर्सांत जोधपुराक आपलें आस्थान घाले भायर पूत दूदाजीक "मेडता" जिखचे खातीर झूजाक धाडलो. वि. १५१९ वर्सा सुलतान महमूद खिलजीक हारवौन दूदाजीन मेडता आनी लागीचे ३६० गांव जिखले. दूदाजीक पांच पूत. चौते रत्नसिहाक ताणे बारा गांव दिले. हाणे "कुडकि" आस्थान केलें. हांगा दोंगराचेर केलेलें एक ल्हानशें गढ आतांय आसा. हांतूत वि. १५६१[1] वर्स तं रत्नसिहांलि एकलीच धूव मीरालो जन्म.

जीण

झूजांचो काळ. रत्नसिह सदा रणभूमीचेर आसतालो. मीराली आवय युवरानी कुसुम कुंवरीन[2] तेन्नातेन्ना मेडतांत वचप आसलें. थंय रावळाराचे लागि राव दूदाजीन करयिल्लें एक "चतुर्भुजाजी" देवळ[3] आसा. सर्वानय देवळांत वचप. सानप्राय सून मीराचेर हाजो प्रभाव पडलो. तिजो आज्जो राव दूदाजी एक वैष्णव म्हणिल्यान हो प्रभाव वाढलो. त्या भायर तिजि कृष्णभक्ति वाढौंचे तरेचे विगड दोन संभव लगेन जालें म्हणूय भोव लोक म्हणतात.

कुडकी गढांत एक दिसा एक साधू रावलो खैं. ताजे लागि ताणे मोगान राकचि एक गोविन्दमूर्ति अशिल्लि. चल्ली मीरान ती आशेन मागीलि. जल्यार साधू तीय घेवन चमकलो चिकें दूर वतकच ताका दिसलें कि चल्लेलो उल्लो फाटि घेवन येता ! तशि परत आयिल्ले ताणे रडून बैसिल्ले मीराक ती मूर्ति दिल्लि खैं.

दुसरो संभव मेडतांन. मीरा रावळराचे खिडकींतल्यान भायर चोवन रावतालि जेन्ना एक होराण खाल वाटेचान वत्ता दिकलें. तेन्ना सून एकेक प्रश्न आवयकडे विचारतच रावली.

—मां, होराण कितें गे ?
—मां, लग्न कितें गे ?
—मां, होरेत कितें गे ?

कुसुम कुंवरी एकेकाक जाप दितकच मीराक दुसर दुसर संशय येता ! युवरानीक पूरो जालें ! "मां, म्हजो हारेत...." मीरा अशि निमगूक लागतकच तीणे चल्लेले हातांतलि गोपालमूर्ति दाखौन सांगलें :

"हो तुजो होरेत - होच !"

हे संभव निमित्तींय मीराचे मनांत कृष्णप्रेम खूबसो रिगलो. तेन्ना मीराक दोन वर्स. त्या दिसानी अचानक युवरानी कुसुम कुवरीचो देहान्त जालो. मीराले नष्टपणांचो हो पयलोच वांटो.

तेन्नाचान मेडतांत आज्जो दूदाजीचे वांगडां ती राबूक लागलि. तिजि भुर्गेपणांचि मोगाळ सांगतीं आसलि म्हांता पूत जयमल[4] आनी लळिता[5] (सखीय दासीय) हांगा, आज्जाचे वांगडां चतुर्भुजाजीचो सिंगार, आरति, पूजा बि करतच वर्सां गेलीं. मीराक धा वर्सां जातकच राव दूदाजीन देह सोडलें. मीरा कृष्णाचेर तेंकतच उरलि.

मीराक बारा वर्सं जाताणाच तिजे अत्भुतरूपलावण्याचें खबर कांय मेवाडांतूय पावलें. वि. १५६६ वर्सं थावन राणा सांगा मेवाडाचो महाराय. ताजें आस्थान चितौड. ताजे पूत भोजराजाक मेडतेचि मीराबाई सर्वथा साजूचि म्हणु तागेले दीर्घदृष्टीक कळ्ळें.

तशि वि. १५७३ वर्सां लग्नाचे नंतर मीरा चितौडगढाक आयलि. थोडीं वर्सं सौख्य गृहस्तपणांत गेलीं म्हणतात. भोजराज बरो मनीश आसलो. वीर, जाताणाय शांत. जाल्यार मीराक मांय कर्मवतींचो राग तांकूका जालो. तेन्ना चितौडाचो राजधर्म शैव[6]. थंय बायलांक देवीपूजा सांगिल्ली. ताचेर मीरान उपेक्षा दाखयलि—तेंच न्हय, त्या भायर कृष्णपूजा करूंकय लागलि.हें कर्मवतीक तनिक पुणीय रुचलेना. तशि जेन्ना १५८० वर्सां अकस्मात भोजराजालो देहांत जालो तेन्ना थावन चितौडगढाचें मीरालें जीवन कष्टतर जालें.

मांव तो गुणवंत, बुधवंत आनी बरो आसले खातीरीय; मुगळांक परास्त करूंक ताका राव रत्नसिंहालि सैन्यशक्ति जाय आसले खातीरीय मीरालो जीव वांचलो.

वि. १५८४ वर्सा तेच महाराणाक जावन बयानाचे झूजांत राव रत्नसिंहान वीरमृत्यु प्राप्त केली. नंतर त्याच वर्सा खानवाचे झूजाचे उपरांतें महाराणा सांगाचोंय देहांत जालो. तेन्ना मीरा तेवीस वर्सांचि. जायतिं मरण तीणें तेन्नाचान तांकलिं. अदृष्ट हेंच सिखयतालें तिका–

म्हारां री गिरधरगोपाल
दूसरां णा कूयां–

आतां चितौडांत अधिकाराचे खातीर जायतें कुतंत्र मिश्किल चलतालें. आपलेच भावाक मारून[7] वि. १५८८ वर्सा विक्रमादित्य चितौडाचो राय जालो. उपरांतें ताणें मीराक म्हस्त द्रोह दिले. एकांतवास सून विष दीवप मेरेन. दैवकारुण्यान आनी राजसेवकांले जीवकारुण्यान[8] मीरा वांचून उरलि. अशे द्रोह सहन करूक जायनास्तां वि. १५९० वर्सा लागि मीरा चितौड सोडून लळिताकय घेवन मेडतेक भायर सरली. हादीर पुष्कर तीर्थाकडे पाविल्लि ती चिंतित बैसलि–

विध बिधणा री ण्यारां–

मेडतेंत म्हांत वीरमदेवाचे भर्सी चिके काळ खोशेन गेले. हांगा तं सानप्रायेचें तिजें मोगाचें चतुर्भुजाजी देवळ (हें आमकां आजीय पळौयात)

हे वेळा जोधपुराचे राय राव मालदेवान मेडता

आक्रमण केली. थंय सोडून सर्वंय अजमीर पावंतकच राव मालदेवालें सैन्य थंयीय पावलें. वि. १५९२ वर्साचे झूजांत राव वीरमदेवाचो देहांत जालो. मीरान आजमीर सोडलें. लौकीक सर्व सोडून तीणे कृष्णाकच आपणायलो[9] पायानि तिका पुष्कर तीर्थाकडेय, नंतर वृन्दावनांतूय पावैलि–

चालाँ मणवा जमणा काँ तीर–

थंय तिका जीवगोस्वामी नांवाच्या सन्यासीचि वळख जाली. विद्वांसूय, व्हड कृष्णभक्तूय आसलो तो सपूद घालनु बैसल्लो जन्मांत स्त्रीमुख चोवना म्हणु ! देखून ताणे मीराक दर्शन दिलेना. तेन्ना मीरान अशि सांगलें– "वृन्दावनांत एकलोच दादलो–तो श्रीकृष्ण!" हें आयकतकूच आपलेचेरीच लजा दिसून मीराक स्वागत करूक सन्यासि तो धावन पावलो खैं ![10]

पुण मीराक वृन्दावनांतूय शांति मेळीना. केन्नाकच थंयसून कृष्ण गेला ! तागेलेच वाटेन तीय भायर सरलि. अतिदीर्घ ते यात्रेचे नंतर वि. १६०० वर्साचे शुरुवेक ती द्वारकेंत पावली.

द्वारकेंत समुद्रापाडीक आसा प्रसिद्ध रणछोडजी[11] (श्रीकृष्ण) देवळ. हांगा ती पावलि. तिका दिसलें–हेंच तिजें घर-हाजे सोदपाकच इतले काळ काडलले–ती चिरतन यात्रा आज सोंपल्या अशि.

विशाल दर्याक कृष्णबण्णु. केन्ना केन्ना आपैत रावचि ल्हारां. सदा सुखद साद गाजोपाचो. रणछोड मूर्तीचें मोहक रूप. मीरा हांतूत भिजली. सदा मूर्तीचे खाल तिजे

गिरधराक पळेत ती बैसवि.

एदाणा राव मालदेवाक जिखून जयमलान मेडता प्राप्त केली. आनी थंय मीराक आपैली. ती तागेली मोगाळ आका, भुर्गेपणाची संगाती, तेंच न्हय भक्तिमार्गार गुरूय आसलि. पुण मीरा परत गेलीना. ती पूराच सन्यासाचे, विरक्तीचे वाटेर मुकारसलि.

मीराकय सारखिल्ले भक्तांकय द्रोह दिले निमित्तींच रजपुत्रांचि ही दुर्दशा[12] म्हणु जयमलाक दिसतालें. तिका खंडित परत हाडचे खातीर निमाणे ताणे पांच ब्राह्मणांक धाडले. ह्याणीं द्वारकेंत रणछोडजी देवळाकडे पावन मीराक परत व्हरचे खातीर भोव वावर केले. जल्यार मीरालो जीवूच थंय भिजल्लो, तीणे थंय पावन वीस वर्सां भायर जाललीं. तिका दिसतालें किं तिजि सगळीच जीण थंयच काडल्या! थंयसून वचाक ती तयार न्हय आसलि. जाल्यार ब्राह्मण ते हारवूंक पावलले न्हय. उतरां चलना देकून ताणीं उप्पास सुरू केलो. देवळाचे मुकावेले अतिथिशालेंत ते निराहार पडले.

मीरा आखांतली. ब्राह्मण उप्पास सोडनात तर ब्रह्महत्या जातलि. तो सोडका जाल्यार तीणे परत चलका जातलें. दोनीय नज ! एकीच ह्यादी उरताली........

भुर्गेपणा-मोगाचे तेच गोपालमूर्तीचेर बोटां कवळून मीरा रणछोडजी देवळाचे पश्चिमदाराच्यान दर्याकडे चमकली.......

व्हांवते दोळ्यांत आनन्दाचिं नखेत्रां फुलेवन-तोंडार

मन्दहासाचिं, हर्षाचिं फुलां उद्द्वेवन-पावलांक पाकां फुटून मुकार मुकार–तिजे वंटांचेर तोच परणो गींत खेळतालो, निमण्या खिण मेरेन......

चालाँ वाही देस प्रीतम पावाँ
चालाँ वाही देस–

अशि द्वारिकेचे रणछोडजी देवळाकडे कलियुगाचि राधा तिजें विरहाचें जीण दांटवून श्रीकृष्णज्योतींत विलीन जाली.



कवन

❀ अखयाँ तरशा दरसण प्यासी

दोळे वावंटतात दिकपाक तानी
वाट चोवन दीस काडतां सजंनी
दोळ्यांत दुखारासी
खांद्यार बैसून रडता कोगुळ
दुख येता विकरसी.
कोडु उतरां उलैतात लोक
निन्दा हासा भरसी.
मीरा हरिचे हातांत विकली
जन्म जन्माक दासी.

❀ आज शुण्या हरी आवाँ री

आयलो म्हणु आज आयकिलें गो
आयलो हरी म्हणु आयकिलें गो.
येने घरांत दूर दोळ्यांत
प्राण तळवळेवन रावला गो.
दोळे परतनात सांगचें आयकनात
दूकां गळयत रावले गो.
करचें कितें कांय म्हजान जांवचें न्हय
पाक उबूक ग्रंय उरल्यां गो ?
मीरालो प्रभु गिरधरनागर
वाट सदा ताजो राकल्यां गो.

❀ आली म्हाणे लागाँ वृन्दावन नीकाँ

❀ आली म्हाणे लागाँ वृन्दावन नीकां

आगो म्हजे दोळ्यांत वृन्दावन मोहन.
घर घर तुळसी, प्रभूचें पूजन
मागीर गोविन्द दर्शन.
निर्मळ जल होळोवंचि यमुना
दूद मेणांय पान.
रत्न सिंहासनार बैसला श्याम
मुकुट केलां तुळसीन.
कुंज वनाचे तितलेय वाटेन श्याम
भोंवता पिरलूक वाजून.
मीरालो प्रभु गिरधरनागर
भजन विना नर तण.

❀ आवाँ मनमोहण जी जोवाँ थारी बाट

हे पावटि यो मनमोहना
हांव राकता चोवन वाट.
खाणाक जेवणाक येना आवड
वाकतें दोळ्याचें कवड.
तूं आयले विना येना उजवाड
हरदें हें व्यथेन जड.
तूं विना मीरा पिश्शी थेट
सोडून वशि खंचाड.

❀ आवो मनमोहना जी मीठो थारो बोल

यो रे मनमोहना गोड तुगेली जाप.
भुर्गेपणाचि प्रीत म्हगेली

तूवें केंन्ना तर घेनी लेकप.
विना ते दर्शन ना समाधान
चंचल चित्त घेता लकलकप.
मीरा म्हण्टा हांव तुगेलीं
म्हण्टा तर करीन डांगरो मारप !

※ आवो सहेल्या रली करां हे

हासून खेळ्या बायानू सोडून घरां वेगळ्यांलीं.
पोल मोती माणिक्य पोल जगाचि जगमग
पोल अलंकार सगट–मोलाचो प्रभूचो मोग.
पोल वस्त्रां विदेशाचि बहुवर्णान साजल्लीं
प्रभु मोगाचि आंगवालीं देह निर्मळ राकतलीं.
सप्पन रुचये रांवदयो जिबेर अंत कोडवाणी
प्रभू प्रेम स्वादिष्ट सदा-उरो ना उरो मिटमागी.
परके भुंयचें सारें पळौन किलायिता कित्याक जळकाय ?
बरी माती ही सूकि तर प्रभू प्रेम गो रौय.
परको तर दाष्टीक पडता कशें आपण्याक ?
ताजें तर संगात्य बरें लेकनात लोक.
रोगी आसो ना भोगी बरो आपलौ घोव
मात ताजें संगात्य बरें म्हणून आठौंव.
अविनाशी होच धनी सत्य हाजीच प्रीति
प्रभु मेळ्ळो मीराक भक्तिचि हीच रीति.

❀ करणाँ सुणि स्याम मोरी

आयक म्हजी काणि कृष्णा
हांव तुजी दासी सदणा.
दर्शनाक तुजे पावलि पिशेपण
विरह दिता वेदना.
तुजेच खातीर जातलिं जोगिनी
भोंवतलि तितले पाटणां.
गावां गावां प्रयाणां.
भस्म सारयतलि चाम न्हेसतलि
जातलिं गोबोर सेवनां.
आजून मेळोना हरि अविनाशी
सोदतलीं रानां रानां.
घेतलि उल्से रुदनां.
दासी मीराक गिरधर दर्शन
सुखद दुख हरणां.
कण कण भरल्या शांति देहांत
सोद आनी तर ना.
सदा दासी चरणां.

❀ करना फकीरी फिर क्या दिलगीरी

केल्यार फकीरि कशें दुख गो मागीरि ?
सदा प्रभूत्रे भक्तींत रावका.
केन्नाक गाडी तर केन्नाक रावळार
केन्नाक रानांत दीस काडका.
केन्नाक हस्थार केन्नाक घोड्यार
केन्नाक पाय भुंयचेर झरौवंका.

केन्नाक कायलोळि केन्नाक दुद्दळि
केन्नाक उप्पास जाय जावंका.
केन्नाक मंचकार केन्नाक पल्लकेर
केन्नाक परत मातींत मेळुका.
मीरा म्हण्टा गिरधराचे मोगार
मेळता कितेंय तर हासून तांकूका.

※ काईं म्हारो जणम बारम्बार

नरजन्म न्हय तशि मेळचो बारम्बार.
पूर्वजन्माचें पुण्य प्रकट जावन
मनुश्याचो अवतार.
भरता क्षण क्षण सरता खिण खिण
सरचाक नाका देर.
रूखाचें कांय पान पडलें तर
थापना दुसेर देंटार.
भवसागर अपार पातळळा
विकट हाजें तें ल्हार.
लाल गिरधर तरणी तारण
वेगीं व्हर ते पार.
दासी मीरा लाल गिरधर
जीण दीस ना चार.

※ किण संग खेलूँ होली

कोणा वांगडा खेळू होळी ?
ताणे त्याजिल्या माका आज एकली.
न्हेसून रुद्राक्ष आज मेकळीं

मोतीं माणिक्य म्हगेलीं
दिसना बरें घर खाण उद्यान
पिशेपण हांव पावलीं.
कित्या माका चिकूळी ?
सायता तुका तर कोण वेगळी
केलि कित्याक माका पयली ?
जायते दीस जावन येनि आजून
नीद सोडून ही रावली.
कशि हांव तुका वेगळी ?
श्याम विना हो जीव सुकता
जल विना कशि कि वाली.
दी मीराक दर्शन देवा
दासी तुगेली जन्मजन्मांतली.
ही दुखान फाळ्ळी.

❋ कुण बाँचै पाती

कोण वाचतलो कागत, प्रभु विना
कोण वाचतलो कागत ?
हाडलें कागत तूवें उद्धवा[13]
खंय गेलो आमचो इश्ट ?
झरलें पावल भोंवड्यो भोंवत
दोळे तांबसे पयस पळेत.
बसली राधा बर्प वाचपाक
तरि काळीज आयलें भरत.
फुटलीं दूकां दोळ्यां कमळांत

गंगा उदक चलता व्हांवत.
पिकल्ले पानां सारखें सुकली
भूक विसरली खायना सीत.
पेटलें हरदें हरिले विरहान
कांय सारखें दोळ्या वात.
भरवसो म्हजो कन्हैयाचो
बुडचे हस्ताक राकलो हात.
दासी मीरा लाल गिरधर
सांकटांर थिर संगात.

❀ कैसे जिऊं री माई

कशि जिऊँ गो बाये, हरि विना
कशि जिऊँ गो बाये ?
उदकांत बेबकुली जन्मता वाढता
थंयच वसति करता.
क्षणाक मासळि उदक सोडतर
विडविडेवन मरूंक लागता.
विना प्रभुचे, दुर्बळ देह
लाकूड तशि वाळतेता.
ओखद कसलेंय वृथाक रे राया
वैद हारीच खाता.
दूकां होळोवन भोंवता रानांत
आंग लासेता रे व्यथा.
दासी मीरा धनी गिरधर
सुख सगटय होच पावैंता.

❋ कोई दिन याद करो

केन्ना तर कर याद रमैया
भोंवडींचे संता.
पीठ चडून निश्चल बैसतर तुका
भक्ति रीति तीच दिसता.
हांव आठैयतां वांगडां येतलो
अर्धवाटेर तूं सोडता.
निश्चल रावचो विमित्र योगी
प्रीत कोणाची करता ?
मीरालो प्रभु गिरधरनागर
मन ते पावलांर लळता.

❋ को विरहिणी को दुख जाणै हो

विरहिणीलें दुख कोण समजता ?
विरह भरललें हरदें तेंच, आनी
हरि भक्तिचें मन वळखता.
रोगीचे भितरीच वैद रावला
मात वैदाक रे ओखद कळता.
विरहाचि खोंचि लागल्या भितर
हरि विना सुख तें कशि मेळता ?
उरता गाय दुखी पिलाचे विचारांत
एकच विचारान तशि हांव भोंवतां.
चातक तान्नेता स्वातीचे वृष्टेक
घेवन उल्लो तशेंच व्याकुलेतां.

कोयर कांटे संसारां भरून आतां
दुख वळखपी कोण आसता ?
मीरालो धनी तूंच कन्हैया
वेगळो कोण राकूक येता ?

❀ चालां वाही देस

वसां तोच देश, श्याम खंय वास
वसां तोच देश.
म्हण तर तांबिडी साडी न्हेसन
म्हण तर कावी वेष.
म्हण तर मोतियान मातें सिंगारीन
म्हण तर सोडीन केस.
मीरालो प्रभु गिरधरनागर
यश हें आयक नरेश.

❀ जागो बँसीवारे ललना

जाग बंसीधारी मोगाळ्या जाग मुरारी.
रात सरली फाल्लें फुटलें
दारां उगडलीं घरघरीं.
बायो घांटितात मेणांय
तांचों कंकण खेळतात हातांरी.
उठा श्यामजी फुटलें फाल्लें
सुर नर दारवट्यारी.

गोवाळ बाळ सगट करतात गोन्दळ
जय जय शब्द जिबेरी
रोटी लोणी काडता हातांत
गोकुलाचो अधिकारी–
मीरालो प्रभु गिरधरनागर
राकता शरण पावल्यारी.

※ जाणाँ रे मोहना जाणाँ थारी प्रीत

जाण रे मोहना, जाण तुजि प्रीती !
प्रेम भक्तिचो मार्ग म्हगेलो
नेंण वेगळि हादी.
आदीं पीयूष मागीर वोष दिवंचि
खंय गांवचि रीती ?
मीरालो प्रभु गिरधरनागर
करि माका संगाती.

※ जो तुम तोडो पिया

तूं तर सोडल्यारीय कृष्णा तुका हांवें सोडना
तुजि प्रीति सोडून माका खंय अशे करुणा ?
तूं जाला रून्द रूख कोगुळ ताजेर हांव
तूं जाला आळ तळें तुगेली मासळि हांव
तूं जाला दोंगर पांगरूचें तण हांव
तूं देवा भांगराकय परिमळ दिवंक फाव !
मीरा म्हण्टा प्रभु तूं व्रजवासी
तूं म्हजो धनी आनी हांव तुजि दासी.

✻ जोगी मत जा मत जा मत जा

जोगी चलनाका चलनाका चलनाका
पायीं पडतां हांव दास तुगेलीं, चोय !
प्रेम भक्तिचो अनवळखि हादी
वाट सामकि दाखय.
गान्दारूखाचि चिता ही आपली
तुजेच हातान जळय.
जळून जाताणा गोबरा रासी
तुजेच आंगाक सारय.
मीरा म्हणता हे गिरधरनागर
ज्योतींत ज्योति मेळय.

✻ जोसीडा णे लाख बधाया

ज्योतिषीक कोटि प्रणाम
आयलो म्हजो श्याम !
जालो आनन्द खोस भोगतां हांव
जीव पावलो सुखधाम.
पांच सखांचे वांगडां सत्कार करतलीं
आनन्द आटय याम.
मोह सगळे फुलले गो मनाचे
सोंपले दुखांचे गीम.
मीरालो सुखसागर स्वामी
घराक पावलो श्याम.

❋ डारी गयो मनमोहन पासी

मोहनान घालें गुळकें गळयार.
गायता कोगुळ आंब्या खांद्यार
मरता हांव, आसा जग आनन्दार.
विरह व्यथेन भोवूं रान रान
प्राण सोडूं काशीत पडूं करवत्यार.[14]
मीरालो प्रभु गिरधरनागर
तुजि हांव दासी तूं म्हजो ठाकूर.

❋ तुमरे कारण सब सुख छोडयाँ

तुगेले कारण सगट सुख सोडल्यां
आतां माका कित्याक दुखयता तूं ?
विरह व्यथा पेटल्या म्हजे भितर
येवन ही आज वाडवय तूं.
आतां तर सोडूक जायशिना प्रभुजी
हासून वेगीं उल्लो घे तूं.
दासी मीरा जन्मजन्माची
आपणाय माका आज तूं.

❋ थें मत बरजा माइडी

संतांक पळौंक वत्ता गो, रावशि आडावण !
सदा श्याम काळजांत माका सायना विगड कोण.
घट्ट नीद निदतात सर्व-हांव तर जागेवन.
जग जें करनात श्यामा प्रीति ताका पिशें अज्ञान.

श्याम रावता काळजांत म्हजा—नीद गेली ताजान.
पावसाचे फोंडांत थावन हावें करचिना पान.
पीयूष वर्षिता हरि निर्झर सरता म्हजी तान.
श्याम रूप गो मोहन सुन्दर करूंक वेता दर्शन.
मीरा व्याकुल विरहिणी आपणाय हिका दयेन.

❀ नागर नन्दकुमार

नागर नन्दकुमार मोग सदांक तुजेर.
पिरलूक आयकत आयकत विसरलीं हांव कुळार.
उदकाक दिसना विडविडो पाडीक मासळि मरतर.
दीवो नकळो विडविडो पाकूट आंग ज़ळैतर.
दी मीराक दर्शन रे–तूं विना शेळी जिव्हार.

❀ नीदडीं आवाँ णा साराँ रात

नीद आयलीना सगळी रात
काय फांतोड फुट्टत ?
दिकत सपन छट जागलि हांव गो
विसरूंक तर ना जायत
खळसून खळसून जीव निंवला गो
केन्ना मेळत दीनानाथ ?
तनु मन विसरून पावलि पिशेपण
काणि कळचो म्हजो नाथ.
मीरालें दुख जाणचो तोच गो
जनिमृति ज्याचे हातांत.

❀ पग बाँध घुँघरयाँ णाच्यारी

पायांर गागर्यो बांदून मीरा नांचलि गो.
हांव म्हगेले नारायणालि
दास माकाच केली गो.
लोक म्हण्टा मीरा पिश्शाट म्हणु
मांय[15] म्हण्टा कुळ लासडि गो.
धाडलो राणान विषाचो खोल्लो
हासत हासत मीरा पियेली गो.
हरिचरणार तनु मन अर्पून
दर्शन पीयूष तानेली गो.
मीरालो प्रभु गिरधरनागार
शरण ताकाच पावलि गो.

❀ पतियाँ मैं कैसे लिखूँ

हांव कशि बर्प बरौंचें, बरौंक अवसना.
कमळ धरत म्हजे हात कांपतात
उदक दोळ्यांचें सुकना.
उलौंव म्हळ्यार उल्लोय उठायना
जीव भिजूडो हालना.
देकून वचानू, म्हजि दुखावस्था
हरिचे लागि म्हणा.
मीरालो प्रभु गिरधरनागर
आश्रय दी चरणां.

❋ पपइया म्हारो कब रो वैर

कोगुळा, कोपु कसलो उगडासार उदेला ?
हांव निदतालिं म्हजे घरान
"पीय पीय" म्हणु जागयल्या.
ऊंच रूखाचे खांद्यार बैसून तूं
गळो सोडून रडल्या.
हुळपे घायांक मीट सारयल्यां
काळजाक सुरि खोंचिल्या
मीरालो प्रभु गिरधरनागर
मन पांवलांर अर्पिल्यां.

❋ पपइया रे पिव की बाणी

कोगुळा री, "पीय पीय" गायत ना राव.
आयकलि तर विरहिणी
तुजें पाक काडतलि पिसडून.
चोंचि मोडयतलि
ऊंच मीटाचो खारो सोडतलि सारोन.
प्रियतम म्हगेलो हांव तागेलीं
"पीय" म्हणपाक तूं कोण ?
प्रभु मेळ्ळो तर आज री
दिसची आवाज भोव गोड तुजी.
तुजे चोंचीर थापीन भांगर
तुका करीन संगाती म्हजो.

प्रियतमाक हांव बरौंव वर्प
तें सग्रत तूं घेरी उबप.
थंय पावन सांग री तूं
सोडलें विरहिणीन अन्न खावप.
दासी मीरा पडल्या व्यथेन
प्रियतमालो उल्लो घेवन.
वेगीं पावं प्रभु अंतरयामी
तुजे विना जायना जीवन.

❀ पायोजी मैं तो रामरतनधन

मेळें गो माका रामरतनधन मेळें !
रत्न अमूल्य हें सतगुरून माका दिलें
दोनीय हातान हांवें आपणायलें.
जन्मजन्माचे सोद हाकाच घेतले
हाजे खातीरीच सर्व त्यज़लें.
खर्चून सारना चोराय जायना
दिस दिस वाढून आसतलें.
सत्याचें मोंचूव सतगुरून धरलें येरें
भवन्हंयचे पार पडलें.
मीरालो प्रभु गिरधनागर
खोस पावन हावें यश गायलें.

✲ पिया मोही दरसण दीजै हो[16]

मोगाळ्या माका दरशन तूं दी रे.
वेळ वेळ हांव आपैतां
आज कृपा तूं करि रे.
ज्येष्ट म्हैन्यांत जल विना
सवणी दुखताचीं रे.
मोर रडता आषाढांत
चातकं तानेताचीं रे.
श्रावणा झोडा पावसांत
बायो तीस खेळताचीं रे.
भाद्रपदांत न्हंय भरता
दूर कोण वसनाचीं रे.
आश्वीनांत तानेवन
सिंपि घेता स्वाति रे.
दैवपूजा कृतिकेंत
माका तुजीच प्रीति रे.
शेळि आग्रहायणांत
राक माका संगाति रे.
पौषांत हिम सगळ्यान
येवन घालि तूं दृष्टि रे.
माघांत वसंतपंचमि
गींत सगट गायताचीं रे.
फालगुणांत येता होळी
मोह जळैताचीं रे.

चैत्र चडयता आशा
दरशन वेगीं दी रे.
वैसाख फुलयता रूखां
कोगळां गायताचीं रे.
कायळे उबैत[17] काळ गेले
ज्योतिषींय म्हणनाचीं रे.
मीरा व्याकुल विरहिणी
पावं केन्ना तुजि नदर रे ?

✻ प्यारे दरसण दीज्यो आय

मोगाळ्या दरशन दी तूं
तूं विना कशि जीऊं ?
जल विना कमळ–चन्द्र विना रजनी
तूं विना तसलें जीण.
आकुळ पिकुळ रात जागतां
काळीज विरहाक खाण.
दीस भूक ना रात नीद ना
कशि म्हणूं तें नेण.
कोण आयकता कोणाक सांगूं हांव
यो वाडवय विरहोष्ण.
कित्याक दुखयता अंतरयामी
येत्तर दुख तें तण.
दासी मीरा जन्मजन्माची
प्रीति तुजीच जाण.

✻ प्रेमनी प्रेमनी प्रेमनी रे

खोमली खोमली खोमली रे
माका प्रेमाचि भाली खोमली रे !
जमुनाचें जल हाडूंक गेलेलीं
भांगरा कोळसो मात्यार रे.
बान्दली हरीन प्रेमाचे दोरान
खय ताणली थंय गेली रे.
मीरालो प्रभु गिरधरनागर
रूप मोहन तें तसलें रे.

✻ बादल देखाँ झरी

कूप पळौन रडलीं, हे श्याम
कूप पळौन रडलीं.
काळीं हळदूवीं कूपां इकठून
वेळ भर पडलीं.
खंय चोवं थंय उदक उदक रे
भूंय ही हरित जाली.
माजो धनी परदेश रावता ताका
दारां राकून तिमलीं.
मीरालो प्रभु हरि अविनाशी
प्रीति पावंय तुगेली.

❋ बादला रे

कूपा रे तूं उदक भरून पावला.
शिरशिरेता पावसु गो बाये
गींत गायतात कोगुळां.
गाजता वाजता मंद पवन गो
गगन कूपानी भरल्यां.
मांचो सिंगारला प्रभु येताणा
बायो म्हणतलीं मंगळां.
मीरालो प्रभु हरि अविनाशी
भाग्य कोणाक त्याक मेळ्ळा.

❋ बिध बिधणा री ण्यारी

खेळ विचित्र अदृष्टाचे—सखी
खेळ विचित्र अदृष्टाचे.
चितळाक दिले होड दोळे
आनी रानांत भोंवचें.
उजळ वर्णाचें देह ढोंकालें
कोगुळ काळे आंगाचें.
जल निर्मळ व्हांवता न्हंयतलें
दर्यांत जाता मिटाचें.
मूर्खजन सिंहासन चडले
ज्ञानी भिखारी सदांचे.
मीरालो प्रभु गिरधरनागर
भक्तांर सळ राणाचे.

✻ भजमन चरण कँवल अवणासी

भज मना चरण कमळ अविनाशी.
मळबा सकयल दिकचें सर्वंय
नश्वर एदेच दिसीं.
तीर्थ व्रत जप सगट कित्याक आनी
करवत्यार पडचें काशीं ?[14]
हे देहाचें गर्व घेवनाका रे
माती ही मात्येचे भरसी.
हो संसार सवण्यांचो खेळ
सांजे वचीं चारीय दिशीं.
लाव कसो रे कात्री वेष्टून
जालो तर सन्यासी ?
योगी जालो पुण युक्ति नेण तर
परत जन्मांचे पाशीं.
मीरालो प्रभु गिरधरनागर
हांव तुगेली दासी.
करता मागणी हात जोडून
जगबन्धन करि पयसीं.

✻ मण थें परस हरी रे चरण

मना तूं परसी हरिचें चरण.
सुभग शीतळ कमळ कोमळ
त्रिविध तापहरण.

हें स्पर्शून प्रह्लाद करता
देवेन्दरा पदवीधरण.
हें स्पर्शन ध्रुव ज़ाला अचंचल
हें ताका आभरण.
हें स्पर्शून प्रपंच जन्मला
अशरणांक हें शरण.
हें नांचलां काळीय फणांचेर
हें गोपींक स्मरण.
हें तांकलां गोवर्धन
करून इन्द्रगर्व तें हरण.
दासी मीरा हे चरणांचि
ज्यान साध्य भवसागरतरण.

✱ माई मैं लियो रमैया मोल

रमैयाक घेतलो गो हावें मोलाक !
कोण म्हण्टा लिपून, कोण म्हण्टा चोरीन
घेतलो बाजून हावें ढोलक !
कोण म्हण्टा म्हारग, कोण म्हण्टा ससार
घेतलो त्रासार तुकून लेक !
कोण म्हण्टा काळो, कोण म्हण्टा गोरो
घेतलो उकतेच नदरेक !
आंगाचें भांगर वेगित दिलें सर्वय तुका
काडलें कंकण अर्पणाक.
मीरालो प्रभु गिरधरनागर
गेले जन्माचें उतर राक !

❀ माई म्हाणो सुपणा

आगो माका सपनांत
लग्न करली दीनानाथान.
सप्पन कोटि लोक आसलेले
व्रजनाथालें होराण.
साजलो मांटव सपनांतूच
जालें पाणिग्रहण.
सपनांत माका लग्न म्हजें जालें
हांव सुहागण.
मीराक गिरधर मेळो गो
पूर्वजन्माचें स्मरण.

❀ माई म्हाँ गोविन्द गुण गास्याँ

आगो हांव कृष्णकीर्तन करतलीं.
चरणामृत घेतलीं सकाळीं
नित्य उठून दर्शनाक वेतलीं.
देवळाकडे हांव नांच करतलीं
पांयजण वाजयतलीं.
प्रभू नांवाचें मोंचूव चलौवन
भवन्हंयचे पार पडतलीं.
कांट्यांचो हो संसार गो
हांतूत माका शेंडीली.
मीरालो प्रभु हरि अविनाशी
कीर्ति म्हणून सुख भोगतलीं.

❋ माई म्हाँरी हरि न बूझी बात

आगो म्हजो कृष्ण कांयच उलयना.
आंग म्हजें सोडून कित्याक
प्राण पापी हो बसना ?
दोळे मेळयलेना जाप दिलीना
रात आनी उरलीना.
उलैनाशिं रावून युगच गेलें
कशें उषार तेन्ना ?
श्रावण पांवतलो श्याम येतलो
खबर पडलें कानां.
रात काळखी जोगलां झळकी
मोवलीं सगळीं खिणां.
मीरा दासी हरि अविनाशी
जोण सरता ताजे तानां.

❋ माई साँवरे के रंग राची

हांव श्यामाचे रंगान न्हालीं !
मोगरीं केसांचेर गागरीं पायांचेर
लजेपण सोडून नांचलीं.
संत सामीप्यान सोडली कुबुद्धि
श्याम प्रेम सत्य जाणलीं.
सांज सकाळीं हरिचे गुण म्हणु
काळे सर्पाचो घास वांचलीं.
श्याम विना जग सूकें—ज्यांत
क्षर सगटय म्हणु वळखलीं.
नटवर गिरधर भक्ति मीराक
मधुर मधुर दृष्टी पडली.

✤ मेरो बेडो लगाज्यो पार

म्हजी दोणी लाघ पलतडी
प्रभुजी आयक विनन्ती.
सहन केलें भोव दुख जगाचें
शंका शोक भेती.
मन बुडता हें अष्टकर्मांत
दांटवय दुखाची राती.
दुसेर दुसेर घेवंका जन्म
चौरासी लाख पावटी.
मीरालो प्रभु गिरधरनागर
सारय म्हजी जनि मृति.

✤ मैं तो तेरी सरण परी रे रामा

शरण तुका हांव पावल्यां सदांक रमैया
कशि सायता तशि राक.
तीर्थ आटसष्टि भोवन परतलें
मन आयकना हारवूंक.
हे लोकां माका ना कोण कृष्णा
कान दिवन तूं आयक.
दासी मीरा तांक रमैया
तुटय जगपाशांक.

❋ म्हाणें चाकर राखां जी

राबय माका चाकर तुगेली
गिरधरलाला, चाकर तुगेली.
चाकरि करतां पोरसां वोयतां
केन्ना तें दर्शन घेतां.
वृन्दावनाचि वाट सगळीच
गोविन्द लीला गायतां.
चाकर हांव दर्शन घेतां
स्मरण मागेलो पगार.
जन्म जन्म वांवटून मेळतलो
भक्ति भाव जागीर.
मोर मुकुट पीताम्बर भूषित
वन वैजन्ति गळ्यारी.
वृन्दावनांत गोरवांक चरयता
मोहन मुरळीधारी.
जिवीं हरित नव झाडां वोयतलीं
सोणु सोणु तांका आळीं.
न्हेसून तांबिडी साडी
श्यामसुन्दराचें दर्शन घेतलीं.
मीरालो प्रभू गिरधरनागर काळजांत खूप अशान्ती.
जमुना देगेर आज माका तूं दी दर्शन मदराती.

❋ म्हारा री गिरधरगोपाल

म्हाजो गो गिरधरगोपाल.
विगड ना कोण–विगड ना कोण
सगळो लोक पळौन जाण.
भाव सोडून बन्धु सोडून
सगळो हो लोक त्यजिला.
साधू लोकां संगात बैसत
लजेपण सगट सोडल्यां.
हासल्यां पळौन भक्तांक
आसक्ति पळेत रडल्यां.
घांटून मेणायांत थाकून
मात लोणि तें वेंचल्यां.
रोवन रोंपी प्रेमाची, सदा ती
अश्रु कणानी सिंपल्या.
वाढली आज–आनन्द फळानी
रूख हो सगळोच भरला.
जावंचें कशें तें जावं–आज गो
लगन मीराचें जाल्यां !

❋ म्हारे आज्यो जी रामाँ

मागेथंय यो मोहना
जागेतली शांती तेदाणा.
मेळतलीं तुका–लोळतलीं सुखांत
तितल्यो आशाय संपूर्णा.

मागेले तुगेले मदें अंतर ना
सूर्या-वोत त्या गुणा.
मीराले मनांत वेगळें कांय ना
तान तुजीच मनमोहना.

❋ म्हारो मण हर लीण्यो रणछोड़

म्हाजें मन रणछोड[11] फारता
मोर मुकुट माथ्यार शोभता
कुण्डळ रे थळथळता.
चरणांबुज रत्नाकर धुयता
लागीं गोमती व्हावंता.
आलतडी पलतडी ध्वज उबतात
मोत्यां तोरण फळफळता.
वत्सांक सुख वृद्धि क्षेम
रणछोड पावेंता.
मीरालो प्रभू गिरधरनागर
अभय दी तुजे हातां.

❋ यहि विधि भक्ति कैसे होय

अशि कशि भक्ति आंकुरतली ?
मनाचे कळंक मन सोणु वसनातीलें
तीळो केल्यार ओल्ले निढळीं !
क्रूर कामाचे सूण्यान केल्यां
लोभाचे दोरान बन्धन.

क्रोध कसाईक काळजां वसति
कशि मेळतलो रे नन्दन ?
विषयां माजरि काडता वळवळो
खाण तिका खावैता.
भुकेन निर्जुळ दीन हीन तरीय
रामनाम ना आठैता !
आपले आपण्याकच पुजून पुजून
फुललें सगळें आंग.
अभिमानाचे पाषणा दोंगरार
जल स्वंय राबचें सांग !
जो तुजें काळीज वळखता
ताका कशि फटवचें ?
काळजांत हरि ना—जल्यार जिबेन
जपा माळा वे मोंवचें !
हरि भक्तिचो भक्त जा
परित्यक्त करून संसार.
मीराचो प्रभु गिरधरनागर
अनासक्तिचे हादीर.

✲ रमइया बिन नींद न आवै हो

रमैया विना नींद तर येना.
नीद येना विरह् तांकना
प्रेमा ज्वाला आयम्हणु राबैना.
प्रभू ज्योती विना घर काळखें
वेगळो दीवो तर सायना.

प्रभू विना हो मांचो उदासी
रातभर नीद आयलीना.
तूं घरांत येवंचो केन्ना ?
सवणी मोर बेब्बे उलयतात
कोगुळ गायता रानां.
काळीं कूपां देवन येतात
जोगुल भिवन ही चोयना.
दोळे भरून येतात तेन्ना.
कितें करचें खंय वचें सखि गो
दूकि सुकौपी कोण कळना.
काडलो घास विरहा नागान
जीवाळो आंगार राबना.
ओखद कित्या पावैना ?
कोण म्हजौ सखी गो वांगडां
श्यामाक हाडतली येत्ताणा ?
मनमोहन साजलो मीराक
प्रभू मेळतलो केद्दाणा ?
हासून उलैतलो केद्दाणा ?

※ रमइया मेरे तोही सूँ लागी नेह

रमैया माका जाली तुजीच प्रीत !
उरिल्लो मोग तो फाळनु उडैशि रे
चडीच वाढय रे प्रीत.
जाणतालीं तर हांव रे राया
दुख पावैता प्रीत;

भोंवतालीं गांवां धोल वाजून
"कोणंय करशाय रे प्रीत ! "
दूद कडैशि आनी वेंचीशी
मूर्ख तशे बी इष्ट.
हून क्षणाक शेळ क्षणान
क्षण वैरी क्षण इष्ट.
प्रीत करतल्लो पिसो खरो तो
करनु तुटंवचो क्रूर.
दांटवून आडावण प्रीत राकतल्लो तो
भोव अप्रूप वीर.
तूं बळवंत माळो विशाळ
हांव रेवेंचें मेट.
पूर्व जन्माची प्रीत वाढौंची
कशि रे जावंची भेट ?
एक जाग्यार वांगडां वोयतरीय
आम्बो आनी तो कांटो
एक दिता फाय रोस म्होवाळो
दुसेरो घायांचो वांटो !
ऊंच उंचावेली झरी तशे ती
प्रीत अस्थिर लोकांची.
व्हांवत वेगीं अमसरीं आनी
जाता फेणांत खरची.
आयले श्रावण भाद्रपद रे
उल्ले घेतात मोर.
मेळें मीराक भक्तसांगात रे
वारो थंड झोडांर.

❀ री म्हाँ बैठयाँ जागाँ

विरहिणी हांव जागीं बेसल्यां
जग तें सगळें निदेंत बुडल्यां.
खंय रावळारांत विरहिणी बेसून
माळा गांतीता मोत्यांची.
हांव विरहिणी तर पळेत
माळा गांतीता दूकांची !
रात काडली मोजून नखेत्रां
केन्ना म्हूर्त सुखाचो पावंचो ?
मीरालो प्रभू गिरधरनागर
मेळतर सोणु न्हय धांवचो !

❀ लगन का नांव न लीजै री भोली

प्रेम तें उतर विसर गो भावडे !
प्रेमाची हादी भोव विचित्र
पयले पावलार तनु जळता.
प्रेम तुका तर करका जल्यार
गोमटो दिवंचा जाय जाता.
प्रेम तसो दीव्याचेर पाकूटाचो
उज्याक जो आपणावता.
प्रेम तसो संगीतार चितळाचो [10]
चलून मुखार गूळो खाता.
प्रेम तसो चन्द्राचेर चकोराचो
जळचो इंगाळो गिळता.

प्रेम तसो उदकार मासळ्यांचो
सोडतर प्राण ओंपता.
प्रेम तसो फूलाचेर भंवराचो
विसरून भितर सिरकता.
मीरा म्हणता प्रभू गिरधरनागर
घाली पांवलांचेर चिन्ता.

❋ सखी री लाज बैरण भई

सखी म्हजी लाज शत्रु जाली.
श्रीलाल गोपाला संगात
कित्याक गेलीं ना ?
कठिन क्रूर अक्रूर[19] आयलो
रथ देखून रडलीं.
रथार चडून गोपाल गेलो
हात घष्टून रावलीं.
काळजा फात्तरि श्यामा विरहान
फुटून कित्या पडली ना ?
दासी मीरा लाल गिरधर
पिट्ठो कित्या जाली ना ?

❋ साँवरियो रंग राचाँ

हांव रे श्यामा रंगान
राणा, आज रंगलीं !

पायंजणां प्रेमाचीं बान्दून
आज प्रभुचे मुकार नांचलीं.
वाजून ताळियो मृदंगाचे वाजपांत
साधूंचे संगात नांचलीं.
एकि पळौंची एकि समजावंची
एकि निन्दा करून वरली.
श्यामाचें पिशें म्हणताय माका
लोकांक ही प्रीति तरणी.
राणान धाडलो विखाचो खोल्लो
पिवंचाक संशय करनी.
मीरा हे चरणां सत्य वळखली !

❋ साँवरा नन्दनन्दन दीठ पड्याँ माई

सुन्दर नन्दनन्दनाची नदर जेन्ना पावली
आंग अंतर लोक सगळो शेंडून रावलीं !
मोरा पाकां माथ्यार किरीटा नीळशी शोभलीं.
मोहित जातात तांबसो तीळो पळेत रावतल्लीं.
मकर कुंडलां हालून शोभावंत फळफळतालीं.
मोहक केसाचीं ल्हारां वांगडां तांचे खेळतालीं.
शेंडून न्हंय मासळ्यो पावल्यात तशि दिसतालीं.
सुन्दर नासिका–दोळ्यांत चोराय भरून विकरताली.
होंटार हास मोगाचो–चोयतां चोयतां रावतालीं.
केस मुदियाळे–तें नटस्वरूप पळैतल्लीं

सोस्से चान्ने सारंग संसार पुर्तोंच विसरताली.
पळौन ताजे दांत गुल्लो त्योय लजेताली.
गळ्यार तीन बोरे आनी चंद घांट वाजताली.
गिरधराले प्रत्यंगाचेर मीरा गो अर्पण जाली.

❀ स्याम म्हाँ तुम बाँह्ड़ियाँ

श्यामा हांव तुजे चरणां.
न्हंयत बुडता मोंचूव
सगटय आज ते शरणां.
अवगुण म्हजे साभार
राकचें कोणें तूं न्हंतणां ?
मीराली प्रभू श्याम
राक नांवाचे रक्षणां.

❀ हरिजन धोबिया

संतानू, हे दिव्य मडवाळानू
धूयाय म्हजें मालिन्य तुमी.
धूयाय सगट मालिन्य तुमी
उर्चेनाशि जनिमृति आनी !
ध्यानाचि सौकापळि घेवन
धूवणि कराय क्षमा शान्तीन.
मन हो कीर-घूड शरीर
बैसला आज हो येवन भितर.

दासी मीरा म्हणता हे गिरधर
जाण हें जीण ना दीस दोनी.

❀ हेरी म्हाँ दरद दीवाणी

दुखान गो माका पिशेपण
माजें दुख हें नेण कोण.
घायाळो वळखता घायळ्याचि गति
काळीज उजाचें भाण.
मालक वळखता माणिक्याचें मोल
शेंडूचो कस्सलें जाण ?
दुख भोगतां–घर घर भोवंतां
मेळनात वैद कोण.
मीराले सगळे घाय सुकतले
केन्ना वैद नारायण !

चत्राय

1. क्रिस्तुवर्स 1503.

2. मीराले आवयचें नांव "वीर कुंवरी" अशि कांय विद्वांसालें मत.

3. "चतुर्भुजाजी" मेडतेचो इष्टदेवूय ग्रामदेवूय.

4. राव वीरमदेवालो पूत "जयमल" भोव वीर आनी ऐेक बिष्णुभक्त. तो तीन वर्सान मीराचो धाकलो.

5. लळिता मीराली इष्टदासी. ल्हान प्राय सूनूच तांचें संगातपण. कुडकोंत वाढल्ली मीरा खंय खंय गेली तिजे वांगडां सदा लळिताय अशिल्लि. तीय स्वयं कांय पद करून मीराचे संगात गायताली. प्रायेन ती मीरा परस चिके वर्सान व्हडली. द्वापरयुगांत राधेकय लळिता नांवाची एक इष्टिणी अशिल्लि खैं !

6. राठोर वंशज रामकुळाचे शैवभक्त क्षत्रीय आनी एकलिंगाचे उपासक, गौरजपूजनय तांकां अशिल्लें. "गणगौर" पूजन करूंक सांगतर मीरान केलेना. (डा. कल्याणसिंह शेखावत)

7. राणा रत्नसिंहालो देहांत सुर्यमलाचे हातान जालो म्हणूय विद्वांसालें मत आसा.

8. राणा विक्रमादित्य अतिदुष्ट देखून कोणंय सेवक खर्यान ताजेर राजभक्ति दवरनात आसले.

9. "नारायणनुं नाम ज लेतां वारे तेणे तजिये रे
मनसा वाचा कर्मणा करिने लक्ष्मीवरने भजिये रे-"
अशि गुजरातांचो संतकवी नरसिंह महेता !

10. ध्रुवादास आनी प्रियादास हांचे ग्रंथांतल्यान.

11 जरासन्ध चक्रवर्तीकडे झूज करतना मथुरा सोडून द्वारकेक धावललो म्हळेल्यान हें नांव कृष्णाक !

12. चितौडाचे राय परतूनूच रावले. वि. १५९३ वर्सा विक्रमादित्याक मारनु ताजो संगातीय म्हांता पूतुय अशिल्लो "वनबीर" राय जालो. "पन्ना" म्हळ्ळेले दासीन आपण्यालेच पुताक बळि दिवन विक्रमादित्यालो धाकलो भाव उदयसिंहाक राकिल्ली काणि प्रसिद्ध. वनवीराक धांवडावन चितौड प्राप्त करचे खातीर वि. १५९७ वर्सा उदयसिंहाक पालव दिलो जयमलान. मागीर वि. १५९९ वर्सा मालदेवाले हातांसून मेडता जिखचे खातीर जयमलाक उदयसिंहालो सहायूय मेळ्ळो. वि. १६१९ वर्सा अकबरान मेडता जिखचे वेळार जयमल चितौडांत अशिल्लो.थंय सून ताणे मीराक परत हाडचे खातीर ब्राह्मणाक धाडले. जल्यार चितौडाचे दीस मोवन जालेले. वि. १६२४ वर्सा अकबरान चितौडगढ आक्रमण केलें. तेन्ना तें राकचें काम जयमलार

सोंपून राणा उदयसिंह लिपून ताजे उदयपूर रावळराकडे धावलो. तीन म्हैन्यांक जयमलान गढ राकलें. पुण एक दीसा अचानक अकबराचेच हातान गूळो लागून ताजो देहान्त जालो.

13. उद्धव कृष्णालो संगाती. मथुरेसून तो वृन्दावनांतले गोपबायांक श्रीकृष्णालें बर्प घेवन आयलोलो.

14. प्रयागांतूय काशींतूय चक्राकारांर कांय खरवत अशिल्ले म्हण्टात. पतितांक आत्माहूति करचे खातीर ते !

15. राणा विक्रमादित्यालो आवय कर्मवती.

16. हें पद राजस्थानाचे लोकगीत "बारहमासाचे" शैलीन.

17. सोयरे कोणंय येतल्यार कायळि रडून तें कळैतली हो विश्वास आजय आसा.

18. शिकार्यांले कोम्बाचे गितांत मग्न जाता चितळ आनी स्वयं तांचे पिंगातांक खाण जाता. तेच वरी चन्द्रमाचेर असो मोग आसा खैं चकोराक किं तो चन्द्रमा कुटके म्हणून जळचे इंगाळे बण्णे गिळता !

19. कृष्णाकय बलरामाकय मथुरेक हाडचे खातीर कंसान अक्रूराक धाडिल्लो. अक्रूर व्हड कृष्णभक्त.

स्वगतां

श्रीकृष्णान कलियुगांत अवतार घेतलोनाच तरि श्रीराधेन तो घेतलो, हेच भारत भुंयचेर ! ती भक्तमीरा कलियुगराधा!

. त्रेतायुगांत श्रीविष्णु राम जालो तेन्ना धाकलो भाव लक्ष्मण जालेले श्री अनंताक दिसलें खें–हांव धाकलो म्हणु माका रामा इतलोच आदर मेळना अशि. तोच द्वापरयुगांत कृष्णाचो मालगडो भाव बलरामाचो अवतार म्हणतात !

आमचे कलियुगांतूय हेंच जालें जावयेत. द्वापरयुगांतले श्रीराधेक आपण गोपिका म्हणून आपण्याक कृष्णान द्वारिकेक व्हरलिना असो हुस्को दिसलो जावयेत. आपण कांय राजकुंवरी जांवक जाय अशें तिका दिसलें जावयेत. कलियुगांत राजस्थानाचे "कुडकींत" ती अवतारलि. आनी जन्मपरांतूय आपलि भक्ति भावना हे गोपिकेन घट धरलि. अखंड भक्तिचें उदाहरण गोपिकाच म्हणु श्रीमद्भागवतांत सुचयल्यां आसा, आनी हे कलियुगांत तरि भगवद्प्राप्तीचो मार्ग तोच भक्तिचो !

अशि कांय तीन सास वर्स पूर्बिल्ले आपले गोवळ्याचे याद विसरनाशें वि. १५६१ वर्सा मीरा जन्मलि. पुणून तिजें विरह तिजे फाटींच उरलें–जांव गोपिका, जांव राजकुंवरि !

*

व्हांवत्या न्हंयत, प्रवाहाचे थंड् उदकांत न्हात्ताणा, मात देह न्हय सगळो जीवूच नितळ निर्मळ दिसता. मीरा-पदांचोय असोच एक निर्मळ जलप्रवाह. स्पर्शून तरि वेतल्याक अपूप शांतताय दिवपी अखंड भक्तिचि झरि ही.

भौतिक जिणेचे सर्व बंदपास नेणताशेंच सडळावन आमचांतले आमकां स्वतंत्र करपी अमृतवाणी ही.

किशोरी आमोंकार, दिलीपकुमार राय, जुथिका राय पंडित ओंकारनाथ, सुब्बलक्ष्मी, लता मगेष्कार, वाणी जयराम, एस. जानकी, अनूप जलोटा, आदी प्रशस्तानि मीरापदां अत्यंत सुंदर श्रवणमधुर जावन गायल्यांत,

*

द्वापरयुगाचि गोपिका सदाकाळ वृन्दावनांतूच अशिलि. पुण कलियुगांत मीराचें जीण तें भोंवडींचेंच. उणाक ऊणे २००० कि. मी. वाटेचि तिजि तीर्थयात्रा. हांतूत चडान चड वांटो पदयात्राच. इतलि कष्टाचि भारतयात्रा केलेले कितले संत आसात ? कितले योगि आसात ? कांय तेच कालाक योगि आसात ? कांय तेच कालाक गोंयासून कोंकणी लोकांचि यात्रा ! तरि तीय बि इतलीच वाट नासलि !

राजस्थानांत जन्मल्ले मीरान थंयचे शैलीन अनेक पद गायल्यांत. आनी थंयचि जन तिका तांचि संत म्हणतात. कांय वर्स ती वृन्दावनांत, मथुरेंत भोंवलि. उत्तरदेशाचे व्रज़ शैलीन आनी कांय पद पंचाबीय मेळसून तीणे गायलिं.

थंय सून गुजराताचे द्वारिकेंत ती पाविलि आनी थंयचा आखेर तांय जियेलि. तेन्ना तीणे गुजराती शैलीनय पद गायलिं. देखून उत्तरदेशाचे व्रजभाषीय गुजराती जनय मीराक तांचीच संत म्हणु वळखतात, म्हणतात.

अशि, नेणताशेंच तीणे, गिरिधराले पावलां फाटींच चलतास्तां आपले जिणेंतल्यान "भारत जोडो" म्हणून दवरल्यां! अशेंच तीणे आपले अखंड विश्वासांतल्यान, स्वच्छंद भक्तीं-तल्यान, आनी शुद्धविचारांतल्यान सर्व भक्तिसंप्रदायांचीय तत्वां आपल पदांत एकमेळायल्यांत, आनी अदृश्य ते पिरलुकेचे स्वरांक स्वर जोडोवन अनर्गळ गायल्यांत.

*

भारतांतले खंचेय प्रमुख भासेंत मीरापदावलि अणकारतस्तां त्या त्या भासेंतलीं कांय पुणीय उतरां हांतूत दिसतेलीं अशें माका दिसता. कांय कोंकणी उतरांय बि माका हांतूत मेळीलीं हावें परतिनाशें तशेंच दवरल्यांत! भिन्न भिन्न देशाचे साधारण जनांचे आनी संतांचे भरि जिणेचे संपर्क निमित्तीं मीरापदावलीक जें सार्वलौकिकत्व मेळें तेंय बि म्हजे अणकाराक जाय म्हणून किते केलें जाणं? हावें वाफेरचे उतरावेळींत एकेक गावांत एकेक व्यत्यस्त कोंकणी जनानि उलौंचि पदां पुंजावन वेंचून गांथून घेतेलीं! आमचि सगटोंचीय कोंकणि ही एकीच न्ही? !

*

हें पुस्तक बरौन अशि उजवाडांत हाडच्यांत जायें तें प्रचोदन, स्फूर्त, मदद आनी तशेंच पुस्तक वाचूनी प्रोत्साह,

अनुग्रह, परबीं सगट दिलेले कितले जाणाक आतां धन्यवाद सांगचें, कितलें जाणाक उपकार मानचें हें हावूंच नकळों ! ल्हान पिरायेर आयकिल्ले आवयचे मोवाळ गींत यादीर येतात. बापूयन सांगिल्यो पुराणांतल्यो काण्यो यादीर येतात. दांत फुटनासो भुर्गों कसो हासपी आज्जाचो हासूय यादीर येता. त्या पासूनूच म्हजे काळजाचे एका कोनशाक नन्दकिशोर लिपून बशिल्लो आसूंक जाय. मीरापदां कासटींत केन्नासूनूच हांव आयकत आयललों-पुण तांचेर, हिन्दी साहित्याचेर, संतांचेर, भक्तांचेर आनी भजन क़ीर्तनांचेर माका तान आयलली ती म्हजे जाण्टेलो इश्ट प्रोफेस्सर वी. शिवानंद भट हांचे संगातान.

हें पुस्तक बरौचांत विशेष पालव मेळ्ळो तो डा. एल. सुनीता बाय हांचो. बरयल्ले नंतर पयलींच वाचून प्रोत्साह दिलोलोय ताणींच. कोचीन सर्वकलाशालेंत हिन्दी विभागांत काम करतस्तनाच ताणीं कितलेशे वर्सांचे प्रयत्नान कोंकणीचो एक विशेंष शब्दकोश तयार केलो. उतरांचीं मूळां सोदपी ते ग्रन्थाचे कामांत व्यस्त आसतना तांकां सुमार २५० कोंकणी उतरांचो संबद इखरावे शेंकड्याचे एका गुजराती शब्दकोशांतले कांय उतरांकडे दिसलो खं !

नंतर आनी दोग जाणा विद्वांसानीय हें पुस्तक वाचून तांचो संतोष कळयलो. कोचीचो प्रो. आर. के. राव केन्द्र साहित्य अकादमींत कोंकणी उपदेशक समितीचो वांगडी ताणीं तांचे कोंकणी भाषा संस्थानाचे वतीन जायते कोंकणी स्वयंशिक्षक उजवाडायल्यात. तृशूरचे श्री. पी. जी. कामत हे

केरळ कोंकणी अकादमीचे अध्यक्ष. म्हजे बरे मागपी हांचोय हांव भोव आभारी.

पुस्तकाक स्वागत बरयल्यां डा. आशा बी. एस. हाणीं हिन्दींत एम. ए. केले नंतर हांणीं एम. फिल. केलेलें "हिन्दी आनी कोंकणी ग्याद्यांचो तुलनात्मक विमर्श" करून मागीर डा. एल. सुनीता. बाय हांचे मार्गदर्शनांत "कोंकणी आनी हिन्दी म्हण्यांत झळकूचो समाज" हे विषयांत संशोधन करून पी. एछ. डी. केलें. डा. सुनीता बायेले कोंकणी शब्दकोशाचे वावरांत कुमारी आशा तांची नियुक्त सहायिका आशिल्ली, आनी आतां हिन्दीची उत्कृष्ट कवी महादेवी वर्माचें व्यक्तित्व आनी कृतित्व हांतूत डी. लिट, करचे वावरांत व्यस्त आसूनूय इश्टागतींतल्याने ताणीं हें मोलादीक स्वागत बरौंचाक फुरसत देखली - हें म्हजें व्हड भाग्य. इश्टांक धन्यवाद सांगची संवय माका नासूनूय हे पावटि तांकां देव बरें करूं अशि म्हणूकच जाय !

ल्हान आसूनूय हें पुस्तक श्रद्धेन आनी सोबितकायेन छापून तयार केलेले कोचीचे दीप्ती छापखान्याचे कारभारींचोय हांव रीणी.

—शरतचन्द्र शणै

एरणाकुळम
२५–५–१९८७

ग्रन्थसूची

1. Devotional poems of MIRA BAI
A. J. Alston 1st Ed. Motilal Banarsidas-Delhi.

2. Minstrels of God Part I & II
BANKEY BEHARI Bharatiya Vidya Bhavan Bombay

3. Cultural leaders of India Series-
Devotional poets & Mystics Part II
Publications Division - Delhi

4. The great Moghuls- Bamber Gascoigne
B I Publications - Delhi.

5. The Moghul Empire. Ed. R C Majumdar
Bharatiya Vidya Bhavan-Bombay.

6. Saints of India Part III
Sri Satya Sai Books & Publication Trust

7. ഭക്തമീര പാടുന്നു – പുത്തൻകാവ് മാത്തൻ തരകൻ
സാഹിത്യപ്രവർത്തകസഹകരണ സംഘം-കോട്ടയം

8. मीरा-परिचय तथा रचनाएं - सुदर्शन चोपडा
हिंद पोकट बुक्स - दिल्ली.

9. मीरा बाई का जीवन चरित्र - ललिता प्रसाद सुकुल
बंगीय हिन्दी परिषत - कलकत्ता.

10. मीरा बाई और उनकी पदावली
—प्रो देशराजसिंह भाटी. एम. ए.
अशोक प्रकाशन - दिल्ली.

11. मीरा बाई—एक अध्ययन—डा. राजेन्द्रमोहन भटनागर
भारतीय ग्रन्थनिकेतन—दिल्ली.

12. मीरा बाई का जीवनवृत्त एवं काव्य
—डा. कल्याणसिंह शेखावत
हिन्दी साहित्यमन्दिर-जोधपुर.

13. मीरा बाई शोधप्रबन्ध—डा. सि. एल. प्रभात
हिन्दी ग्रन्थ रत्नाकर प्राइवट लिमिटड—मुंबइ.

14. हिन्दी साहित्य— युग और प्रवृत्तियां
—प्रो. शिवकुमार वर्मा
अशोक प्रकाशन—दिल्ली.

15. हिन्दी और कन्नड में भक्ति आन्दोलन का
तुलनात्मक अध्ययन—डा. हिरणमय
विनोद पुस्तक प्रकाशन—आग्रा.

पदानुक्रमणिका

अशि कशि भक्ति आंकुरतली	47
आगो माका सपनांत	42
आगो हांव कृष्णकीर्तन	42
आगो म्हजे दोळ्यांत वृन्दावन	21
आगो म्हजो कृष्ण	43
आयक म्हजी काणी कृष्णा	23
आयलो म्हणु आज आयकिलें	20
कशि जिऊं गो बाये	26
कूप पळौन रडलीं	38
कूपा रे तूं उदक भरून	39
केन्ना तर कर याद रमैया	27
केल्यार फकीरी कशें दुख	23
कोगुळा कोपु कसलो	34
कोगुळा री	34
कोण वाचतलो कागत	25
कोणा वांगडां खेळूं होळी	24
खेळ विचित्र अदृष्टाचे	39
खोमली खोमली खोमलो	38
जाग बंसीधारी	28
जाण रे मोहना	29

जोगी चलनाका चलनाका 30
ज्योतिषीक कोटि प्रणाम 30
तुगेले कारण सगट सुख 31
तूं तर सोडल्यारीय कृष्णा 29
दुखान गो माका पिशेपण 55
दोळे वांवटतात 20
नरजन्म न्हय तशी मेळचो 24
नागर नंदकुमार 32
नीद आयलिना सगळो रात 32
पायांर गागर्यो बान्दून 33
प्रेम तें उतर विसर गो 51
भज मना चरण कमळ 40
मना तूं परसी हरिचें चरण 40
मागेथंय यो मनमोहना 46
मेळें गो माका रामरतनधन 35
मोगाळ्या माका दरशन दी तूं 37
मोगाळ्या माका दरशन 36
मोहनान घालें गुळकें गळ्यार 31
म्हजी दोणी लाय पलतडी 44
म्हाजें मन रण छोड़ फारता 47
म्हाजो गो गिरधर गोपाल 46
योरे मनमोहना 21

रमैया माका जाली तुजीच प्रीत 49
रमैया विना नीद 48
रमैयाक घेतलो गो 41
राबय माका चाकर तुगेली 45
वसां तोच देश 28
विरहिणी हांव जागीं 51
विरहिणीलें दुख 27
शरण तुका हांव पावल्यां 44
श्यामा हांव तुजे चरणां 54
सखी म्हजी लाज 52
संतांक पळौंक वत्ता गो 31
संतानू हे दिव्यमडवाळानू 54
सुन्दर नन्दनन्दनाची नदर 53
हासून खेळ्या बायानू 22
हांव कशि बर्प बरौंचें 33
हांव रे श्यामा रंगान 52
हांव श्यामाचे रंगान न्हालीं 43
हे पावटि यो मनमोहना 21

श्याम आसल्यार वृन्दावन

श्याम नासल्यार वृथा वन

शरत

❀ मनिशांलो जीव भक्तिचे अगाध समुद्रांत बुडून परमात्म-साक्षात्काराचें मोतीं काडूक केन्नाय आटेविटे काडता. पुण सगटांकय तें मेळना. आपण्यालें सर्वस्व अर्पण करचे भक्तांकच तें मेळता.......

❀ व्हांवत्या न्हंयन प्रवाहाचे थंड उदकांत न्हाताना, मन, देह न्हय सगळो जीवूच निंतळ, निर्मळ दिसता. मीरा-पदांचोय असोच एक निर्मळ जलप्रवाह. स्पर्शून तरि वेतल्याक अप्रूप शांतताय दिवपी अखंड भक्तिचि झरि ही. भौतीक जिणेचे सर्व बंदपाम नेणताशेंच सडळावन आमचांतले आमकां स्वतंत्र करपी अमृतवाणी ही.......

❀ अखंड विश्वासांतल्यान, स्वच्छंद भक्तींतल्यान आनी शुद्धविचारांतल्यान "मधुर गीतांची राजकुंवरि" मीराँन सर्व भक्तिसंप्रदायांचींय तत्वां आपले पदांत एकमेळायल्यांत आनी अदृश्य ते पिरलुकेचे स्वरांक स्वर जोडोवन अनर्गळ गायल्यांत.......

मीरा - जीवन आनी कवन

मोल - धा रुपया